# मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं गोंय कृशी महाविद्यालयाचे उक्तावण

**ता. 27 सप्टेंबर 2022**

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज एला फार्म, पोरणे गोंय हांगा राज्य कृशी वेवस्थापन आनी विस्तार प्रशिक्षण संस्था, गोंय आनी कृशी संचालनालय, गोंय सरकार हांच्या जोड पालवान सुरू केल्ल्या गोंय कृशी महाविद्यालयाचे उक्तावण कृशीमंत्री श्री रवी नाईक आनी कुंभारजुवा मतदारसंघाचे आमदार श्री राजेश फळदेसाय हांच्या उपस्थितीत केले.

गोंय कृशी महाविद्यालयाच्या उक्तावण सुवाळ्याक कृशी सचीव श्री अरुण कुमार मिश्रा, गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रो. हरिलाल मेनन, उच्च शिक्षण संचालक श्री प्रसाद लोलयेकर, कृशी संचालनालयाचे संचालक श्री नेविल आल्फोन्सो, कृशी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. प्रवीण भेंडे, उत्तर गोंय जिल्हा पंचायतीचे अध्यक्ष श्री सिध्देश नाईक, ओल्ड गोवा ग्रामपंचायतीचे सरपंच श्रीमती सँड्रा गोन्साल्विस आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

कृशी महाविद्यालयांत नव्यान प्रवेश घेतिल्ले विद्यार्थी आनी तांच्या पालकांच्या उपस्थितीत उलयताना डॉ. सावंत हांणी महाविद्यालय सुरळीत चलतले आनी पदवीधारकांच्या उज्ज्वल भविश्याखातीर अभ्यासक्रमाक सगळ्यों आवश्यक मान्यताय आसतल्यो, अशें उतर दिले. डॉ.सावंत हांणी सांगलें, महाविद्यालय बरे तरेन चलोवपाखातीर सरकाराकडल्यान सगळें तरेची मदत करपात येतली. विद्यार्थ्यांनी कृशीविशारद जावपाचे उद्दिश्ट दवरपाक सांगून तांणी महाविद्यालयात कृशी विशयांत पदव्युत्तर शिक्षण सुरू करतले, अशें सांगलें.

डॉ. सावंत हांणी महाविद्यालयाखातीर रोखडीच नवीन इमारत बांदपात येतली. तशेंच भारतीय कृशी संशोधन संस्थेच्या समन्वयान महाविद्यालयात कृशी संशोधन विभाग सुरू करपात येतलो, अशें सांगलें.

गोंयांक शेती उत्पादना बाबतीत स्वयंपूर्ण करपाखातीर शेतकारांक आंतरपीक घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाची गरज उक्तावन मुख्यमंत्र्यान सरकाराकडल्यान शेतकारांक विंगड विंगड येवजणाखाला अनुदान दिवपात येता अशें सांगलें.

राज्यांत पशुवैद्यकीय महाविद्यालय आनी मत्स्यपालन विशयात पदवी अभ्यासक्रम सुरू करपाची सरकाराची येवजण आसा, अशेंय तांणी सांगलें तशेंच तांणी किसान क्रेडिट कार्ड सुविधा, कृशी प्रशिक्षण आनी हेर उपक्रमांची माहिती दिली.

कृशीमंत्री श्री रवी नाईक हांणी गोंयांत कृशी महाविद्यालय सुरू जाल्लेबद्दल समाधान उक्तावन विद्यार्थ्यांनी कृशी क्षेत्राचे शिक्षण घेवन गोंयांत चडात चड शेतजमीन लागवडीखाला हाडपाक योगदान दिवपाक सांगलें.

आमदार श्री राजेश फळदेसाई हांणी गोंयच्या विद्यार्थ्यांक कृशी शिक्षण घेवपाक राज्याभायर वचपाक पडटाले, पुण आता गोयांत कृशी महाविद्यालय सुरू जाल्ल्यान गोंयच्या विद्यार्थ्यांक ताचो फायदो जातलो, अशें सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/584

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji